# पेडणे म्हालात वीज पुरवण सुरळीत करपाखातीर खात्याचे यत्न

ता.6 ऑगस्ट 2019
15 श्रावण 1941

राज्यात पडपी उटंगारांचो पावस आनी वाऱ्याक लागून वीज पूरवण खंडित जावपा वांगडाच खात्याचे मोठ्या प्रमाणात लुकसाण जाला. राज्यात 3 ऑगस्ट सावन वाऱ्यासयत नेटान पावस पडपाचे चालू आसा.

पेडणे म्हालात अंजूणे, आजगांव, कोळवाळ कामुर्ली., रेवोडा, नानोडा, पिर्णा, मयडे, शिवोली, मांद्रे, मोरजी, हरमल, नागझर, वारखंड, हाळी-चांदेल, धारगळ ह्या वाठारांत झाडां पडिल्ल्यान लायटीच्या सरयांचे आनी खांब्याचे लुकसाण जाला. जायते कडेन खांब्ये मोडून पडल्यात तशेंच सरयो तुटून पडल्यात.

ह्या वाठारांतली वीज पूरवण सुरळीत करपा खातीर खात्यावतीन दुरूस्तीची कामां नेटान चालू आसा. पूण नेटाचो पावस आनी वाऱ्याक लागून दुरूस्तीच्या कामाक आडखळ येता.

पेडणे म्हालातल्या वेगवेगळ्या वाठारांत मेळून 45 खांब्ये मोडल्यात तशेंच सुमार 185 कडेन वायरी तुटून पडल्यात.

वीज पुरवण सुरळीत करपा खातीर खात्यान खाजगी परवानाधारक वीज कंत्राटधारकांचीय मदत घेतल्यात. वीज पूरवण जाता तीतले बेगीन सुरळीत करपा खातीर वीज खात्याची नेटात यत्न चालू आसा.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/429

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA